आकाशवाणी पणजी

**17.09.2026 @ 6.30 pm - National News**

संवसार नवे आनी विस्वासांत घेवपा सारके उत्पादन केंद्र सोदता आनी ही मागणी पुराय करपा खातीर भारत सतत तयारी करता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. आयज नवी दिल्लींतल्या यशोभूमिंत ‘सेमीकॉनइंडिया 2026’चें उक्तावण करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी उदयाक येवपी जागतीक उत्पादन आव्हानांक फुडो करपाखातीर भारताक एक विस्वासपात्र आनी सदांच तयार केंद्र म्हूण सादर केलें. कृत्रिम बुद्धीची अफाट मागणी फकत ट्रान्झिस्टर आकारा वयल्यान पुराय प्रणाली एकठांय करपा कडेन लक्ष कशी स्थलांतरीत करता, तातूंत स्मृती प्लेसमेंट आनी उश्णताय वेवस्थापन सारकिल्या आंगांचो आस्पाव जाता हाचेर प्रधानमंत्र्यांनी भासाभास केली. Byte pm भारतांतल्या तरणाट्या संशोधन प्रतिभेक मुखार पावल दवरचें असो तांणी उलो मारलो. तशेंच परदेशांतल्या तरणाट्या संशोधकांक भारता भितर प्रगत तंत्रगिन्यानाच्या विकासांत वांटो घेवपाकय प्रधानमंत्री मोदी हांणी उलो मारला. देशांतल्या संशोधन आनी उदरगतींत फुडाकार घेवपाचें आवाहन ताणें उद्देग धंद्यांक केलें, हें परस्पर फायद्याचें थारतलें-भारताच्या तरणाट्यांक सशक्त करतना उद्देगीक वाड चालीक लावप हे उद्दिष्ट आसा.

केंद्रीय शिक्षण मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी नवी दिल्लींत मुळाव्या शिक्षक शिक्षणा खातीर स म्हयन्यांच्या ‘प्रमाणपत्र (पुल) अभ्यासक्रमाचें’ उक्तावण केलें. हो अभ्यासक्रम खासा सध्या नोकरी करपी मुळाव्या शिक्षकां खातीर तयार केला, जे बी.एड. पदवीधर आसात. अशा शिक्षकांक मुळाव्या पांवड्यार शिकोवपा खातीर जाय आशिल्लें प्रमाणपत्र मेळोवपा खातीर हो अभ्यासक्रम एक म्हत्वाचो मार्ग थारतलो अशें शिक्षण मंत्रालयान सांगलां. ह्या खाशेल्या वेवसायीक उदरगत कार्यावळींतल्यान व्यापक प्रशिक्षण मेळटलें, जाका लागून शिक्षकांक मुळाव्या पांवड्यावेल्या विद्यार्थ्यांक प्रभावीपणान शिकवपा खातीर गरजेची कुशळटाय आनी योग्यताय विकसीत करपाक मदत जातली. हो ‘पुल अभ्यासक्रम’ ‘नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ ओपन स्कूलिंग’ (एनआयओएस) चालीक लायतलो आनी शिक्षकांक भुरग्यां केंद्रीत, समावेशक, आनी विकासाक योग्य अशा शिकोवपाच्या पद्दतींचें प्रशिक्षण दितले. शिक्षणाचें माध्यम हिंदी आनी इंग्लीश आसतलें.

फाटल्या बारा वर्सांत देशांतल्या डॉप्लर हवामान रडारांचो आंकडो 14 आशिल्लो तो 51 जाला अशें केंद्रीय पृथ्वी विज्ञान मंत्री डॉ.जितेंद्र सिंग हांणी सांगलें. ओडिशाच्या संबलपूरात भारताच्या 51व्या आर्विल्ल्या डॉप्लर हवामान रडाराचें उक्तावण मंत्री डॉ.जितेंद्र सिंग हाणी आयज केले तेनिमतान ते उलयताले. 'मिशन मौसम' खाला सुमार 40 अतिरिक्त रडार करपाची येवजण आसा असो उल्लेख तांणी केला. हवामानांतल्या घडणुकांचेर नियंत्रण दवरपाची आनी तांकां प्रतिसाद दिवपाची भारताची तांक घटमूट करपाच्या सरकाराच्या व्यापक यत्नांतलो हो विस्तार आसा अशें तांणी मुखार सांगले. वादळ, वीज पडप, व्हड पावस आनी हेर हवामान संबंदीत धोक्यांक असुरक्षित आशिल्ल्या प्रदेशां खातीर वाडिल्ली निरिक्षण क्षमता खासा म्हत्वाची आसा अशें तांणी स्पष्ठ केले. सरकार एकाच वेळार जमनीवयल्या हवामान निरिक्षण प्रणालींचें जाळें वाडयता अशें डॉ.जितेंद्र सिंग हांणी सांगलें. एक व्यापक, बहुस्तरीय हवामान निरिक्षण जाळें स्थापन करपाच्या उपक्रमाचो एक भाग म्हूण रेडिओसोंड केंद्रां आनी मायक्रोवेव रेडिओमीटर अशीं प्रगत निरिक्षण प्रणालींची उपेग करपाचेर ताणी भर दिलो.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, भौशिक सेवेतली २५ वर्सा पूराय करतात. हो प्रवास 'जन सेवेतल्यान देश सेवा' या मंत्रान आणि आजय कायम आशिल्या अथक कटीबद्धतेन घडला. सेवा आनी सुशासनाच्या या दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मेरेन 'विकसित भारत'चे उद्दिष्ट साध्य करपाक अविरत प्रयत्न करता. सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमातल्यान, ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता. आयज, 'सेवा संकल्प अभियान' या विशेष मालिकेत Sagarmala प्रकल्पावरवी, हो दृष्टिकोन कृतीत कसो हाडलो हाचे एक उदाहरण आसा.  ८४५ परस चड प्रकल्प  ६ लाख कोटी रुपया परस अधिक गुंतवणूक करून, २०१५त सुरू केल्यात. 'सागरमाला' उपक्रमाचो उद्देश बंदरांक उत्पादन केंद्र, बाजारपेठ आनी लोकांकडे जोडून भारताच्या दर्यादेग विकासाचे इंजिन करप आशिल्लो. या उपक्रमाच्या पाच-स्तंभीय दृष्टिकोनामदी बंदरांचे आधुनिकीकरण, अखंड रस्ते आनी रेल्वे संपर्क, बंदरांचेर आधारित औद्योगिकीकरण, दर्यादेग समुदायांचो विकास आणि दर्यादेग उदका येरादारी आनी अंतर्गत जलमार्गांचो अधिक वापर आसपावता.